Aakashwani Panaji Regional 7.25 am 27 january 2025

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लीच्या करियाप्पा परेड मैदानाचेर आयज ncc (राष्ट्रीय लष्करी दळ) वर्सुकी रॅलींत मार्गदर्शन करतले. अंदूच्या एनसीसी पीएम रॅलीचो विशय युवा शक्ति विकसित भारत आसा . ह्या सुवाळ्यांत 800 परस चड कॅडेट राष्ट्र निर्मिती खातीर एनसीसीची वचनबद्धताय दाखोवपी सांस्कृतीक कार्यावळ सादर करतले. तशेंच ह्या रॅलींत १८ परकी देशांतल्या, १४४ परकी देशांतल्या तरणाट्या कॅडेटुय वांटो घेतले .राष्ट्रभरांतले मेरा युवा भारत शिक्षण मंत्रालय आनी आदिवासी वेव्हारांतले 650 परस चड स्वयंसेवकय खाशेले सोयरे म्हूण रॅलीक हाजीर आसतले.

---

संविधान हें फकत एक कायदेशीर दस्तावेज न्हय. तर तें न्याय, स्वतंत्रताय, समानताय आनी भावपणाच्या तत्वांचो जीवंत पुरावो आसा. तो अपेक्षांचो दीपस्तंभ आसा आनी आमकां आधुनिक आनी आव्हांनात्मक संवसारात फुडें मार्गक्रमण करपाक मार्गदर्शन करता, अशें गोंयचे राज्यपाल पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी म्हळां. ते आयज ताळगांव पठारावयल्या गोंय विद्यापिठाच्या मैदानाचेर आयोजीत केल्ल्या राज्य पांवड्यावयल्या प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवन मानवंदना दिवन आनी संचलनाची पळोवणी केल्या उपरांत उलयताले.फुडें उलयतना राज्यपालान म्हणलें, ह्या यादस्तीक वावराचो मुखेल शिल्पकार डॉ. बाबासाहेब आंबेडकर हांणी किर्तवंत राज्य घटनेच्या सभेच्या सहभागान विविधतायेत एकता राखप आनी ह्या म्हान देशाच्या दरेक नागरिकाक सक्षम करपा खातीर आमकां ह्या रचणूकेची भेट दिली.राज्य सरकारची तोखणाय करतना राज्यपालान सांगलें, मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या फुडारपणाखाला गोंय राज्य नेटान उदरगतीची कामां करता. उत्कृश्ट सेवा आनी प्रशासनातल्यान गोंय हे स्वयंपूर्ण, आत्मनिर्भर राज्य करपाच्या

उद्देशान गोंय सरकारान भारत सरकारच्या आत्मनिर्भर भारत-गरीब कल्याण कार्यक्रमाच्या धर्तेर "स्वयंपूर्ण गोंय" अभियान सुरू केला. गांवांची उदरगत करून ग्रामीण अर्थ वेवस्था सुदारप हो ह्या कार्यक्रमाचो एकमेव उद्देश आसा. दरेक गोंयकाराच्या जीणेत परिवर्तन हाडून गोंय आत्मनिर्भर करपा खातीर सरकार अंत्योदय, सर्वोदय आनी ग्रामोदय तत्वाचेर काम करता.

---

कुमारजुंवेंचें क्रिकेट मैदान देशांतल्या आधुनिक मैदानां सारकें विकसीत करपाची येवजण आसा. फुडल्या कांय दिसांनी मैदानाचे उदरगती खातीर बुन्याद घालपाचे आसात. फुडाराक हांगा रणजी क्रिकेट मॅची जावच्यो हे नदरेनूय आमी पावलां उखलतले, अशें कुमारजुंवेचे आमदार राजेश फळदेसाय हांणी सांगलें.ते दुसरे अखिल गोंय लॅदर बा ॅल क्रिकेट सर्तीच्या उक्तावणा वेळार उलयताले. तंदुरुस्तीक उर्बा दिवपा वांगडाच तरणाट्यांक तांची प्रतिभा दाखोवपाची संद दिवपाची गरज आसा. तांकां वेवसायीक खेळांनी करियर करपाक अशे तरेच्यो सर्ती म्हत्वाच्यो अशें फळदेसाय हांणी सांगलें.

---

30 मे 2025 मेरेन म्हणल्यारुच ह्या येवपी घटक राज्य दिसा गोंय 100 टक्के साक्षर जातले अशें विधान मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी केलां. सध्या गोंयांत साक्षरतेची टक्केवारी चौद्याण्णव टक्के आसा अशी म्हायती तांणी दिल्या.मुखेलमंत्री डॉ सावंत गोंय शिक्षण संचालनालय आनी राज्य शिक्षण संशोधन मंडळाच्या जोडपालवान नवभारत शिक्षण अभियान ह्या उपक्रमा वरवीं आयोजित उल्हास ह्या कार्यावळींत मुखेल सोयरे म्हूण उलयताले. जे नागरीक शिंकुक पावुंक ना अशा व्यक्तीं खातीर शिक्षण दिवन तांका साक्षर करपाचो उपक्रम केंद्र सरकारान 2002 वर्सा सांवन नवभारत साक्षरता अभियान ह्या उपक्रमा वरवीं सुरु केला. गोंयात लेगीत अशा अशिक्षित लोकांक शिक्षित करपाचे काम सध्या सुरू आसा.खास करुन गोंयच्या जेश्ठ नागरीकांनी ह्या उपक्रमाचो लाव घेतला.तांका स्वतचे नांव बरोवपाक कळचें, वेळ कितलो जाला, पैशे कशे मेजप, तशेंच सदच्या जीणेंत लागपी गजाली कश्यो वाचप ,

समजुन घेवप हे विंशी ह्या उपक्रमा वरवीं मार्गदर्शन जाता अशी म्हायती ह्यावेळार SCERTची संचालक मेघना शेट्ये हांणीं दिली. ह्यावेळार उच्च शिक्षण संचालक प्रसाद लोलयेकार, शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे, तशेंच सांख्यिकी आनी मुल्यांकन खात्याचे संचालक विजय सक्सेना हाजीर आशिल्ले.